प्रादेशिक खबरो १३.०१.२०२६ @ ७.२५ AM

GANESH 180

पाच दिसांच्या शीयांळी अधिवेशनाची सुरवात काल  राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांचे अभिभाशणान जाली. विकसित भारत 2047च्या धर्तीचेर 2037मेरेन विकसित गोंय करपा खातीरचो आराखडो निमणे पावंड्यार पावला. 2037मेरेन विकसित गोंया खातीरची सगळी उद्दीश्टा पुराय जातलीं, असो विस्वास राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी अभिभाशणात उक्तायलो. मुळाव्यो सुविदा, भलायकी, शिक्षण, वीज. भौशीक बांदकाम, शेती, उदका पुरवण, कला, समाज कल्याण, नुस्तेमारी हया सगळ्या वाठारातल्या कामगिरीचो नियाळ राज्यपालांनी अभिभाशणात मांडलो. कुशावती हया तिसऱ्या जिल्हयाक लागून मुळाव्यो सुविदा तयार जावन प्रशासन लोकांच्या दारान पावतलें.पयलेच खेपो गोंयचो नक्शो कोकणीतल्यान तयार जाला. गोंयचे दायज, संस्कृती आनी कोकणीक उर्बा मेळपाच्या दिकेन म्हत्वाचे पावल आसा.  घर नावार करपी म्हजे घर येवजणेक लागून हॅप्पीनेस इंडेक्स वाडटलो, अशी आस्त राज्यपालांनी उक्तायली.

RASHMI 70

आठव्या गोंय विधानसभेच्या बाराव्या अधिवेशनाचो पयलो दीस सोमारा विरोधकांच्या बोवाळान सुरु जालो., विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांचे सयत विरोधी आमदारांनी   राज्यपालाचे अभिभाशण सुरु जताकच  सुरवेकुच बर्च बाय रोमियो लोन अग्नीकांड प्रकरणाचो विशय लांवन धरल्लो. ह्यावेळार आमदार एल्टन डीकोस्टा, कार्लुस फरेरा, विजय सरेदसाय, विरेश बोरकार, कायतु सिल्वा, तशेच विरोध पक्षातल्या हेर वांगड्यांनी

सभाघरात  बर्च  अग्नीकांडाच्या विशयाचे तक्ते दाखोवन खोलायन चवकशी , तशेच  सरकारा अपयेसी थारिल्या वेगवेगळ्य विशयाचेर  उलोवप करपाची मागणी केली.

SUSHANT

स्वामी विवेकानंदाची 163वी जयंती रवींद्र भवनान  मनयली. स्वामी विवेकानंद हांचो मडगाव शारा कडेन आशिल्लो इतिहासिक संबंध लक्षात घेवन, मडगाव रवींद्र भवन वाठारांत स्वामींचो पुतळो उबारपाचो संकल्प राष्ट्रीय युवा दिना निमित्त जाहीर केलो.स्वामी विवेकानंद मडगांवांत आयिल्ले, देखून ताचो पुतळो मडगाव हांगा उबारपाची मागणी न्याय्य आसा. स्वामी विवेकानंदाचें केंद्र रवींद्र भवन, मडगाव हांगा आसा, ते खातीर तांचो पुतळो ह्या वाठारांत उबारप योग्य थारतलें अशें भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांणी  मुखेल सोयरे म्हूण उलयताना सांगलें. ह्या वेळार रवींद्र भवनचे आदले अध्यक्ष दामू नायक, रवींद्र भवन अध्यक्ष राजेंद्र तालक, उपाध्यक्ष मनोहर बोरकार, वांगडी सचीव आशा हरमलकर,  आनी मुखेल वक्ते वल्लभ केळकार हे हाजीर आशिल्ले.

SUSHANT

ल्हान भुरग्याखातीर आशिल्लो तिसरो बुलबुल आंतरराश्ट्रीय बाल चित्रपट महोत्सव आज सावन मडगावच्या रवीन्द्र भवनात सुरु जाता. आज सांजवेळा ५ वरांचेर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी ह्या महोत्सवाचे उक्तावण जातले. राष्ट्रीय स्तराचेर पुरस्कार प्राप्त जाल्ले नागराज मंजुळे हे ह्यावेळार हाजीर आसतले.ह्या महोत्सवात गोंयांतल्या सगल्या वाठारांतल्यान शाळांतले विद्यार्थी वांटेकार जातले. भुरग्यांखातीर सिनेमा वांगडाच वेगवेगळ्यो सर्ती, कार्यशाळा आनी मनरिजवणेच्यो कार्यावळी घडोवन हाडल्यात. आज  रोहन मापुसकर हांच्या ‘एप्रिल-मे ९९’ ह्या मराठी चित्रपटान ह्या महोत्सवाची सुरुवात जातली. वेगवेगळ्या ३२ भाशांतले ल्हान भुरग्यांचे चित्रपट ह्या महोत्सवात दाखयतले.

गोयांतले ११० परस चड शाळांनी ह्या महोत्सवाखातीर नोंदणी केल्या अशी म्हायती ह्या महोत्सवाचे संचालक बिपीन खेडेकार हांणी दिली.

RASHMI

17-19 जानेवारी ह्या काळात गोंय रान म्हामंडळान  गोय रान महोत्सवाचे आयोजन केला अशी म्हायती म्हामंडळाची अध्यक्ष देविया राणे हाणी दील्या. पणजीत  कांपाल Art park जावपी ह्या महोत्सवाचे उक्तावण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जातले. महोत्सवाचे उरील्ले 2 दीस सांजेच्या 5 वराचेर कार्यावळी सुरू जातले.गोंयची राना ,रानाची संस्कृताय,रानात रावपी आदीवासी समाजाची जीवनशैली,पारंपारीक खाणा जेवणा,खेळ,लोककला,लोकनाच हांचे प्रदर्शन जातले.हे शिवाय eco tourism,home stay,देवराई, वखदी झाडा तशेंच हेर वीशयाचेर उलोवप जातले.पर्यटकांमुखार तशेंच गोंयच्या तरणाट्यामुखार  गोंयच्या  रानांची गिरेस्तकाय दाखोवपाच्या हेतान  ह्या महोत्सवाचे आयोजन केला.हे शिवाय गोंयच्या राननी जावपी रान भाजयो,तशेंच हेर पिकावळी हांगा विकपाक आसतले.ह्या महोत्सवात आप मजत गटांची खाणा जेवणाची दालना आसतली.जाल्यार फुडारात ह्या art parkअशा पद्धतीची 20 दालना कायम आसतली अशी म्हायती देवीया राणे हीणे दील्या.

JAN

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या परीक्षा पे चर्चा कार्यावळीत वाटो घेवपाक राज्यातल्या विद्यार्थ्यांनी व्हिडीयो भाषण सर्तीत वांटो घेवन आपल्याक पात्र थारावचो अशें आवाहन गोवा राज्य शिक्षण संशोधन संस्थेन केला. परीक्षा पे चर्चा कार्यावळीची ९वी आवृत्ती ह्या म्हयन्याच्या तिसऱ्या सप्तकांत जावपाची आसा. परीक्षा पे चर्चा कार्यावळ कित्याक

महत्वाची ? वा आत्मनिर्भर भारत तशेंच स्वदेशी ; विकसीत भारत २०४७ घडोवपाक कितली महत्वाची आसा अशा दोनापैकी एका विशयाचेर विद्यार्थ्यांनी आपलो व्हिडीयो शाळांक दिल्या लिंकाचेर अपलोड करचो अशें आवाहन GSCERT न केलां.

Sports

लईराई फुटबॉल पंगडांन आमदार चषक जिकलो . मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट  हानी आयोजित केल्ले आमदार चषक २०२५-२६ फ़ुटबॉल सर्तींत लाईराई फुटबॉल पंगडान  वस्तादपणाचो करंड उबारलो

हवामान

पणजी वेध शाळेन दिल्या महितीप्रमाण पणजेत चडांतचड तापमान 32 आणि उण्यात  उणे २०  डिग्री सेल्सियस नोंद झाला